-

# स्वाधार गृह येवजणेखाला संस्थांक अनुदान

ता. 24 मे 2020

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयाच्या स्वाधार गृह येवजणेखाला पिडीत बायलांक निवारो, अन्न, कपडे, वैजकीय उपचार आनी हेर सुविधां सयत तांचे पुनर्वसन करपाचे कार्य करपी संस्थांक अनुदान दिवपात येता.

हे येवजणेखाला दक्षिण आनी उत्तर गोंयांत प्रत्येकी 30 बायलांक सेवा दिवपा खातीर स्वाधार गृह स्थापन करपात येतली. ह्या केंद्रांनी पिडीत बायलांक निवारो, अन्न, कपडे, वैजकीय उपचारां सयत सामाजीक –आर्थिक मदत, कायदेशीर मदत आनी कुटुंब/समाजाकडेन जुळोवन घेवपा खातीर मदत करतले.

बायलांचे कल्याण/समाज कल्याण/बायलांचे शिक्षण अशा मळार काम करपी राज्य सरकारी यंत्रणां, बायलां उदरगत महामंडळ, स्वायत्त संस्था, नगरपालिका, कंटोनमेंट बोर्ड, पंचायतराज संस्थां, सहकारी संस्थां, नोंदणीकृत ट्रस्ट, नागरी संस्थां, बिगर सरकारी संघटनांक स्वाधार गृह येवजणेखाला अनुदान दितात.

अर्ज आनी येवजणेविशीं चड म्हायती जाणून घेवपा खातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, शिक्षण खात्याची पोरणी इमारत, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा संपर्क करचो वा बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयाच्या https://wcd.nic.in/schemes/swadhar-greh ह्या संकेतथळार भेट दिवची. अर्ज सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 30 जून 2020 आसा.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/277

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA